# म्होंवामूस पोसपाच्या प्रशिक्षण कार्यक्रमाचो समारोप

ता. 30 जानेवारी 2018
10 माघ 1939

राजभवनार खादी आनी ग्राम उद्देग मंडळान आयोजीत केल्ल्या तीन दिसाच्या म्होंवामूस पोसपाच्या आनी मातयेपासून आयदनां तयार करपाच्या प्रशिक्षण कार्यक्रमाचो समारोप जालो.

समारोप कार्यक्रमात उलयताना राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी सांगले, ह्या प्रशिक्षण कार्यक्रमात सहभागी जाल्ल्या प्रशिक्षणार्थींनी ॲम्बासेडर जावन आपल्या समाजातल्या हेर लोकांक म्होंवामूस पोसपाक आनी पॉटरी वेवसाय करपाक प्रोत्साहन दिवचे. अशा तरेचो वेवसाय आपूण रावतात त्याच वाठारांत करप शक्य आसून येणावळ मेळपा वांगडाच आपल्या हातांनी केल्ल्या कारागिरीपासून मनाक समाधान मेळटा, अशेंय राज्यपालान सांगले.

खादी ग्राम उद्देग मंडळाचे राज्य संचालक श्री. एस. एस. टेंबे हांणी गोंयात खादी उत्पादन लोकप्रिय करपाखातीर पारंपारिक कारांगिर आनी योग्य गावचो सोद घेवपाचे काम मंडळावतीन चालू आसा, अशें सांगून ह्या वेवसायातल्यान राज्यात मोठ्याप्रमाणात रोजगार निर्माण जावपाक शकता, अशें सांगले.

ह्या वेळार राज्यपालाचे सचिव श्री. रूपेश कुमार ठाकूर, गोंय खादी ग्राम उद्देग मंडळाचे अध्यक्ष श्री. नारायण सावंत, मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्रीमती पुष्पलता आर्लेकर आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्लें.

प्रशिक्षणार्थींक चरख्याचेर खादी विणपाचे तशेंच सौर पॉटरी व्हिलाचेर मातयेची आयदनां करपाचे प्रशिक्षण दिले.

राज्यपालाहस्तूकी प्रशिक्षणार्थींक प्रमाणपत्रां भेटयली.